२८.१०.२०२५ सकाळी ७.२५

आकाशवाणी पणजी केंद्र, प्रादेशिक खबरा विभाग

प्रादेशिक खबरो.

केंद्रीय गृहमंत्री तशेच सहकार मंत्री अमित शहा हाणी काल मुंबईत इंडिया मेरीटाईम वीकचे उक्तावण केले. या वेळार उलयतांना शाह हाणी म्हणले की, भारताचो दर्या दृष्टिकोन सुरक्षितता, स्थिरता आणि आत्मनिर्भरतेर आधारित आसा. हालीच्या काळात केल्या व्यापक संरचनात्मक सुधारणानी भारत एक मजबूत दर्या शक्त म्हणून उदेता. गोंय राज्याक गिरेस्त दार्यादेग वाठार फावो जाला. गिरेस्त दर्यावेल्या दायजाक लागून गोंय आयज परंपरा, तंत्रगिन्यान, आनी टिकावूपण हांचे परिपूर्ण मिश्रण दाखयता अशे मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी म्हणला. Uniting Oceans, One Maritime Vision, ह्या संकल्पनेवरवी मुंबयत India Maritime Week 2025 ह्या कार्यावळीचे आयोज केल्ले. ह्यावेळार मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत उलयताले. Byte

भारताच्या वेंचणूक आयोगान गोंया सयत 12 राज्यां/ केंद्र शासित प्रदेशांतल्या वेंचणूक नोंदींच्या खाशेल्या सुदारणांचो येवकार केला. निवळ आनी पारदर्शक मतदार वळेरी ही लोकशायेची बुन्याद; आमी सदांच अचूक, अद्ययावत वळेरी खातीर उबे रावल्यात, जातूंत फकत खरे, पात्र मतदार आसतात. ही मोहीम यादी दुरुस्त करपाक, खंयच्याय बेकायदेशीर मतदारांची वा बेकायदेशीर स्थलांतरीतांचीं नांवां तशेच अपात्र नोंदी काडून उडोवपाक, आनी आमच्या वेंचणूक प्रक्रियेची प्रामाणीकता आनीक घटमूट करपाक मदत करतली अशे मुखेलमंत्री सावंत हाणी म्हळा.

भारत सरकाराच्या वस्त्रोद्योग मंत्रालयाच्या जोड पालवान गोय खादी आणि ग्रामोद्योग मंडळान मडगाव हांगा घडोवन हाडिल्ल्या गांधी शिल्प बाजाराचे उद्येगमंत्री मौवीन गुदीन्हो हांचे हस्तुकी उकतावण जालें. मडगावांतल्या रविंद्र भवनांत हो बाजार भरिल्लो आसून देश भरांतल्या कारागिरांनी विणील्ले कपडे थय विक्रेक दवरल्यात. उक्तावण सुवाळ्यांत उलयतना मंत्री गुदिन्हो हांणी सांगलें, थळाव्या कारागिरांक आनी पारंपारीक वेवसायांक आदार दिवप सरकाराचें मुखेल धोरण आसा. अशा कार्यावळींक लागून गांवगिऱ्या अर्थवेवस्थेक चालना मेळटाच पूण भारताचें गिरेस्त कारागीर दायज तिगोवन दवरपाकय आदार मेळटा अशें तांणी सांगले Byte

अमेरिकेंतल्या टोरोंटो हांगा हालींच जाल्ल्या आंतरराष्ट्रीय दक्षिण आशिया प्रादेशीक चित्रपट महोत्सवांत उत्कृश्ट लघुपटाचो पुरस्कार फावो जाल्ल्या 'आसेसांव' ह्या लघुपटाचे लेखक, दिग्दर्शक आनी सिनेमॅटोग्राफर मांगिरीश बांदोडकर आनी उत्कृश्ट अभिनेत्रीचो पुरस्कार फावो जालली प्रशांती तळपणकार हांचें कोंकणी भाषा मंडळ आनी अखिल भारतीय कोंकणी परिशदेन अभिनंदन केलां. बावीस भासांतल्या एकशें वीस चित्रपटांतल्यान कोंकणी भाशेंतल्या चित्रपटान मेळयिल्ल्या यशाचो आमकां अभिमान आसा अशें कोंकणी भाशा मंडळाची अध्यक्ष रत्नमाला दिवकार आनी अखिल भारतीय कोंकणी परिशदेचे कार्यकारी अध्यक्ष चेतन आचार्य हाणी प्रसिध्दी पत्रकांत म्हणलां.

कोंकणी भाशा आनी साहित्या खातीरचो औंदुचो विमला वी. पै विश्व कोंकणी पुरस्कार हालींच गोंयच्या तीन नामनेच्या व्यक्तीमत्वांक वेगवेगळ्या मळार तांच्या योगदाना विशीं फावो जालो. अंदूंचो विमला वी. पै विश्व कोंकणी जीवन सिद्धी सन्मान हो प्रतिश्ठेचो सन्मान पुंडलीक नारायण नायक हांकां तांच्या कोंकणी साहित्य, नाट्य आनी सांस्कृतीक मळार मोलादीक योगदान दिल्ले खातीर जाहीर केला.जाल्यार विमला वी. पै विश्व कोंकणी साहित्य कृती पुरस्कार साहित्यकार भालचंद्र गांवकार हांकां तांच्या साहित्यीक कृतींतल्या वैचारीक खोली आनी भाशीक सौंदर्य हे खातीर भेटयतले.तशेंच विमला वी. पै विश्व कोंकणी कविता कृती पुरस्कार कोंकणी कवितेच्या मळार उत्कृश्ठ योगदाना खातीर शशिकांत पुनाजी हांकां अंदूंचो सन्मान जाहीर जाला.

पणजी वेधशाळेन नोंद केल्या प्रमाण पणजेत कमाल तापमान 29 डिग्री सेल्सिअस नोंद जाला तर किमान 23.6 डिग्री सेल्सिअस नोंद जाला. गुजरात, केरळ, माहे, कोकण, गोवा, ओडिशा, रायलसीमा, तामिळनाडू पुडुचेरी, कराईकल आणि कर्नाटकच्या दर्या भागात उटंगाराचो पावस पडपाचो अदमास आसा.